29.04.2025 @ 7.20 PM

सुशांत 180

नव्या शिक्षण धोरणांत शिक्षकांची जापसालदारकी वाडल्या. विद्यार्थ्यांक फकत पदवी मेळोवन दिवपा खातीर शिकोवचे बदला आता ह्या विद्यार्थ्यांची सर्वांगीण जडण घडण कशी करप ही जापसालदारकी शिक्षकांचेर येवन पडल्या अशें मत मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी मांडले. अखिल गोंय उच्च माध्यमीक शिक्षक संघटणेन घडोवन हाडिल्ल्या कलागुरुजन महोत्सवाचें उक्तावण केल्या उपरांत ते उलयताले. ही कार्यावळ मडगावच्या रवीन्द्र भवनात आयज जाली. शिक्षण सचिव प्रसाद ला◌ेलयेकार हांचेय ह्यावेळार शिक्षकांक मार्गदर्शन जाले. गोंयांतल्या उच्च माध्यमीक शाळांनी सुमार 20 हजार विद्यार्थी आनी एक हजार शिक्षक आसात. जर एका शिक्षकान फकत 20 विद्यार्थ्यां कडेन संवाद सादलो आनी नव्या शिक्षणीक अभ्यासक्रमाचेर आनी फुडाराक तांकां खंयचो करिअर मार्ग बरो आसतलो हाचे विशीं मार्गदर्शन केलें जाल्यार ह्या विद्यार्थ्यांचो फुडार पर्जळीत जावं येता अशें मुखेलमंत्र्यांनी म्हळें. फकत शिकोवपाचीच न्हय तर विद्यार्थ्यांची उदरगत करपाचीय जापसालदारकी शिक्षकांचेर आसा. शिक्षक बरे सल्लागार जावंक शकतात. शिक्षकांचो सल्लो विद्यार्थ्यांच्या मनांत चड प्रभावी थारूक शकता अशें तांणी सांगलें २०३० मेरेन सगल्या शिक्षकांक पुरायेन प्रशिक्षण दिवन नवे शिक्षणीक धा◌ेरण प्रभावीपणान राज्यात सुरु करतले अशें तांणी सांगलें. ह्यावेळार शिक्षण खात्याचे संचालक शैलेश झिं◌ंगडे, माध्यमीक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळाचे अध्यक्ष भागीरथ शेटये आनी गोंय शिक्षण उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष गोविंद पर्वतकार हाजीर आशिल्ले.

भलायकी सेवा संचालनालयान राष्ट्रीय वेक्टर जनित रोग नियंत्रण कार्यक्रमाखाला आयज पणजे मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत राज्य पांवड्याचेर आयोजीत कार्यक्रमात संवसारीक मलेरिया दिस मनयलो.

कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हूण इंडियन मेडिकल असोसिएशनचे अध्यक्ष डॉ. दत्ताराम बी. देसाय हे उपस्थित आशिल्ले. ह्या वेळार उलयतना डॉ. देसाय हांणी राज्यांत मलेरिया रोगाचेर नियंत्रण हांडपा खातीर भलायकी खात्याच्या कर्मचाऱ्यां कडल्यान जावपी वावराची तोखणाय केली आनी मलेरिया रोगाच्या निर्मूलनाखातीर सगळ्यांनी मेळून प्रयत्न करपाची गरज उक्तायली. गोंय हे ल्हान तशेंच सुशिक्षीत लोकांचे राज्य आशिल्ल्यान लोकांमदी मलेरिया रोगाविशी जागृताय करप आनी

आवश्यक उपाय करून मलेरियाचे निर्मूलन करप शक्य आशिल्ल्याचे, तांणी सांगलें.कार्यक्रम अधिकारी आनी राष्ट्रीय वेक्टर जनित रोग नियंत्रण कार्यक्रमाचे उपसंचालक डॉ. कल्पना महात्मे हांणी येवकाराच्या उलोवपात गोंय राज्यांत मलेरिया नियंत्रणाखातीर केल्ल्या उपायांचो नियाळ घेतलो. 2026 मेरेन गोंयाक मलेरीयामुक्त करपाची मोख national vector borne disease ची संचालक कल्पना महात्मे हांणी दील्या.2018 सांवन गोयात मलेरीयाक लागुन कोणाक मरण येंवच ना तशेंच मलेरीयाच्या दुयसाचे प्रमाणुय उणे जाला अशी म्हायती तीणे दील्या BYTE

राष्ट्रीय मलेरिया संशोधन संस्थेचे अजीत कुमार मोहंती हांचे उलोवाप जाले. भलायकी सेवा संचालनालयाच्यो संचालक डॉ रूपा नाईक हांणी राज्यांत मलेरियाचेर नियंत्रण दवरपाक खात्यावतीन आवश्यक उपाय करपात येत आशिल्ल्याचे सांगलें.

भलायकी मंत्र्यांचे विशेंश अधिकारी डॉ. राजनंदा देसाय आनी हेर भलायकी अधिकारी कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ल.हे वेळार मानेस्तांच्या हस्तुकीं मलेरिया निर्मूलनावयल्या पोस्टर सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटयली. तशेंच उत्कृश्ट सेवेखातीर भलायकी सेवा मळावयल्या कर्मचाऱ्यांचो सत्कार केलो.

2-4 मे ह्या काळात कोल्वा SAG मैदानाचेर spirit of goa 2025 festival चे आयोजन केला अशी म्हायती गोय पर्यटन संचालक केदार नायक हांणी दील्या. ह्या महोत्सवात गोयचे हंगामी पेय फेणी ,हुर्राक तशेच काजुचे हेर जिन्नस तशेंच गोंयच्या पारंपारीक खाणा जेवणाचो आस्वाद घेवपाक मेळटलो.हे शिवाय हस्तकलाची दालना तशेच पारंपारीक लोक कलाचे दर्शन ह्या तीन दीसाच्या कार्यावळीत पळोवपाक मेळटले अशी म्हायती केदार नायक हांणी दील्या.

गोंयची गीरेस्त संस्कृतायेचे दर्शन ह्या महोत्सवात जातले.दर वर्सा ह्या महोत्सवाक बरो प्रतीसाद मेळटि अंदुय महोत्सवाक बरो प्रतीसाद मेळटा अशी म्हायती केदार नायक हांणी दील्या.

पणजे स्मार्ट सीटी प्रकल्पावरवी चालीक लायील्ल्या e-bus क ब प्रवाशांकडल्यान बरो प्रतीसाद मेळटा .पणजेत 7 रस्त्यावेल्यिन 48 e buses धावता.जाल्यार आतामेरेन ह्या बसीतल्यान 16. लाख92 हजार प्रवाशांनी प्रवास केला.हांतुल्यान 27.लाख 24 हजार रूपयाची येनावळ मेळ्ळया अशी म्हायती smart city प्रकल्पाचे मुखेल अधिकारी संजीत रोड्रगीस हांणी दील्या.19500 प्रवासी smart transit card वरवी तिकीट काडटित,फुडारात gpay, तशेंच debit and credit card paymet पर्याय उपलब्ध करतले अशी म्हायती तांणी दील्या.पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत ते उलयताले.34%

तीकीट digital mode जाल्यार 66% तीकीट पैशे दीवन लोक काडटात अशी म्हायती तांणी ह्यावेळार दीला.

स्वातंत्र्य दिस सुवाळो, २०२५चो एक भाग म्हणून, तरुण आणि जनतेमदी देशभक्तीची भावना निर्माण करपाक संरक्षण मंत्रालय १ ते १५ मे २०२५ मजगती MyGov.in च्या जोडपालवान "ज्ञानपथावेल्या रचनेची रचने खातीर सर्त आयोजित करता. सहभागींनी २०२५ च्या स्वातंत्र्य दिस सुवाळ्यात दिल्लीत लाल किल्ल्याचेर ज्ञानपथ डिझाइन (एनसीसी कॅडेट्स/एनएसएस स्वयंसेवक/शालेय भुरग्यांनी तयार केल्या रचनेसयत) डिझाइन/रेखाचित्रा काढची फाटल्या ३ वर्षांच्या स्वातंत्र्य दिस सुवाळ्यातले ज्ञानपथ डिझाइन संदर्भा खातीर दिल्यात.: पयल्या तीन प्रवेशिकांक प्रत्येकी १०,०००/- रुपयांची तीन रोख बक्षिसा आसात पयल्या २५० सहभागींक एका साथीदारासयत लाल किल्लो, दिल्लीत २०२५ च्या स्वातंत्र्यदिससुवाळ्यात वाटेकार जावपाक ई-दीक्षा दितले

गोंयच्या सामाजिक आनी पर्यावरण चळवळीतले फुडारी सेर्जीओ कार्वाल्हो हांचे कुडीचेर आयज बेताळभाटी हांगा निमणे संस्कार केले. कार्वाल्हो हांकां आयतारा म्हापशे हांगां दुखेस्त मरण आयिल्लें. मरणावेळार तांची पिराय ८३ वर्सां आसली. तांच्या फाटल्यान घरकान्न फातिमा, पूत रायन आनी धूव डॉ. कार्ला असो परिवार आसा. आयज सांजवेळा 4 वरांचेर बेताळभाटी हांगाचे नोसा सिन्योरा दुस रेमेडियोस इगर्जेंत निमाणी प्रार्थना केल्या उपरांत तांची कूड मातयेक लायली. ह्यावेळार सामाजिक तसेच पर्यावरण चळवळीत सक्रीय आशिल्ले कार्यकर्ते व्हडा संख्येन हाजीर आशिल्ले.

वास्को कदंब बस स्टॅण्डाचें काम फुडल्या दोन म्हयन्या भितर सुरू जातलें अशी म्हायती आमदार दाजी साळकार हाणें दिल्या. आमदार साळकार हानि आयज कदंब महामंडळाचे चेअरमन उल्हास तुयेकर हांचे सयत सरकारी अधिकाऱ्यांक घेवन वास्कोच्या कदंब बस स्टॅण्डाची पळोवणी केली. पुराय बस स्टॅण्डाच्या विस्तारीकरणाचें काम सरकारान हातान घेवपाचें भारायला. सगळे तरेच्या सुविधानी तयार असो हो बस स्टॅण्ड आसतलो अशी म्हायती आमदार दाजी साळकार हाणी दिल्या.

अखिल भारत नागरी सेवा सांस्कृतीक आनी खेळां मंडळा वतीन गोंय सरकारच्या खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या जोड पालवान 21 ते 30 मे 2025 मेरेन गोंयांत अखील भारत नागरी सेवा बुद्दीबळ सर्तीचे आयोजन करपात

येतले.ह्या सर्तीच्या फांटभुंयेर गोंय राज्य नागरी सेवा दादले आनी बायलांच्या पंगडांची निवड करपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान निवड चाचणी आयोजीत केल्या. निवड चाचणी 6 आनी 7 मे 2025 दिसा बॅडमिण्टन हॉल, पेडे म्हापसा हांगा जातली. दादले आनी बायलां खेळगड्यांनी 6 मे दिसा सकाळी 9.00 वराचेर खात्याचे वळखपत्र आनी खेळां सामानासयत सर्तीच्या थळार हजर रावचे. इत्सुक खेळगड्यांनी ए. पी. ई.. ओ. श्रीमती आंतोनेता पिंटो ( मो. 9822481805) हांचे कडेन संपर्क करचो.

हवामान 35

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान**35** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **27** डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता **73 %** नोंद जाला**.** राज्यात फुडले चार दिस हवामान वताळ आनी सुके आसतले अशे वेधशाळेन कळीत केला